Panaji

प्रादेशिक खबरो

०४.१२.२०२५ @ ७.२० PM

- पारदर्शक आणि सुरक्षित मोबाईल सेवेत वाड करपाक जानेवारी 2025 सावन सुरु जाला एप संचार साथी
- जिल्लो पंचायत वेंचणुके खातीर वेगवेगळया वाठारांनी अर्ज भरप चालू असात
- (SIR) चो दुसरो पावडो सुरू झाल्या-सावन या टप्प्यात समाविष्ट जावपी सुमार एकावन कोटी मतदारांपैकी नव्याणव पूज्य त्र्याय्शी टक्के मतदार आसात.
- श्री दत्त जयंतीच्या निमत्तान तरेकवार धार्मिक आनी सांस्कृतिक कार्यावळींचे आयोजन जालें

नागरिकांखातीर दूरसंचार सक्षमीकरण आता सहज उपलब्ध आसा. पारदर्शक आणि सुरक्षित मोबाईल सेवेत वाड करपाक जानेवारी 2025 सावन सुरु जाला एप संचार साथी: हाची मुखेल वैशिष्ट्या म्हण्ल्यार- 17 जानेवारी क सुरुवात झाल्यापासून, संचार साथी मोबाईल एपचे 1.4 कोटीं परस चड वेळा डाउनलोड्स जाल्यात. 42 लाख परस चड चोरी जाले शेनिल्ले मोबाईल यशस्वीरित्या ब्लाक केल्यात. * 26 लाख चोरी जाले शेनिल्ले मोबाईल फोन सोदून, त्यापैकी 7.23 लाख यशस्वीरित्या परत केल्यात. हे एक लोकशाही, पूराय पणान ऐच्छिक, वापरकर्त्याचेर आधारित आणि गोपनीयतेक प्राधान्य दिवपी एप आसा आणि ते फक्त वापरकर्त्याच्या संमतीनच सक्रिय जाता.एक अब्जापरस चड गीरायक आशील्यान , भारत जगातली दुसऱ्या क्रमांकाची सगळयात व्हड दूरसंचार परिसंस्था म्हणून उदेला.. मोबाईल फोन आता बँकिंग, मनरीजवण, ई-लर्निंग, भलायकी सेवा आणि सरकारी सेवा उपलब्ध करुन घेव्पाक एक महत्त्वपूर्ण प्रवेशद्वार म्हणून काम करतात, का लागून मोबाईलची सुरक्षा आदि परड चड महत्त्वाची जाल्या

जिल्लो पंचायत वेंचणुके खातीर संदीप साळगांवकार आनी अमित असनोडकार हांणी पेन्ह द फ्रांस आनी सुकुर मतदारसंघां खातीर आपले उमेदवारी अर्ज सादर केले. अर्ज सादर करून पत्रकारां कडेन उलयतना जिल्लो पंचायत मतदारसंघाच्या उदरगती खातीर अथक परिश्रम घेतले अशे दोनूय उमेदवारांनी म्हणले. भाजपाचे प्रदेश अध्यक्ष दामोदर नायक, पर्यटन मंत्री आनी पर्वरीचे आमदार रोहन खंवटे, साळगांवचे आमदार केदार नायक, कळंगूटचे आमदार मायकल लोबो, आदले उप सभापती उल्हास असनोडकर, पेन्ह द फ्रांस पंचायत सरपंच सपनील चोडणकर, सुक्कूर सरपंच सोनिया पेडनेकर, आनी कार्यकर्ते हाजीर आशिल्ले.

विनु गावडे आनी प्रगती पेडणेकार हांणी आयज आम आदमी पक्षात प्रवेश केलो. आम आदमी पक्षाचे गोंय प्रदेशाध्यक्ष अमित पालेकर हांणी तांका पक्षाचो शेलो घालुन येवकार दिलो.आम आदमी पक्षान नवे कार्यकर्ते जोडल्यात.जिल्हो पंचायत वेंचणुकेच्य फांटभुयेंर आप पक्षान सगळयात पयली आपल्या उमेदवारांची वळेरी जाहिर केला. गोंयच्या नागरीकांक आप पक्षाची विचारसरणी आवडटा असो प्रतिसाद आमका मेळटा अशे प्रदेशध्यक्ष अमित पालेकार हांणी म्हणला.जिल्हो पांचयातीच्य वेंचणुकच्या फाटभुयेंर आम आदमीच्या प्रचाराक बरो प्रतिसाद मेळळा. पक्षान बऱ्या चरीत्राचे, तांचे समाज वावुरपी, आनी लोकामदमी लोक उमेदवार म्हण तिकीट दिला . पक्षाचे 40 मतदारसंघान प्रचाराचे काम लागी -लागी पुराय जाला अशे अमित पालेकार हांणी म्हणला.

जिल्हा पंचायत वेंचणुके खातीर भारतीय जनता पक्षाच्या 7 जाल्यार काँग्रेसीच्या 1 उमेदवारान अर्ज भरलो. तशेच 3 अपक्षांनी लेगीत उमेदवारी सादर केले. हाचे पयली एका अपक्षान उमेदवारी अर्ज भरला. हाका लागून आयच्या 11 अर्जांसयत जिल्हा पंचायती खातीर वट्ट 12 अर्ज दाखल जाल्या. सोमार सावन उमेदवारी अर्ज घेवपाक सुरवात जाल्या. भारतीय जनता पक्षाच्या फ्रँझीलीया रॉड्रिग्ज अमीत अस्नोडकार,रेषमा संदीप बांदोडकार आनी सुश्मिता पेडणेकार, संदीप साळगावकार, मोहन गावकार आनी रूपेश देसाय हांणी उमेदवारी अर्ज सादर केल्या. रेईश मागूश मतदारसंघात भाजपच्या दोगा जाणानी उमेदवारी अर्ज भरल्या. उजगाव -गांजे मतदारसंघातली काँग्रेस उमेदवार मनीशा शेणवी उजगावकार हांणी लेगीत उमेदवारी अर्ज सादर केलो. हे भायर दिक्षा पागी, विपीन गावकार, सुनील जल्मी या अपक्षांनी उमेदवारी अर्ज सादर केल्या.

वेचणूक आयोगान सांगला की विशेष सघन सुधारणा (SIR) चो दुसरो पावडो सुरू झाल्या-सावन मतदारांमदी ५० कोटी सत्याणव लाखांपरस चड गणना अर्ज वितरित केल्यात. या टप्प्यात समाविष्ट जावपी सुमार एकावन कोटी मतदारांपैकी नव्याणव पूज्य त्र्याय्शी टक्के मतदार आसात. आता मेरेन सुमार सत्तेचाळीस कोटी अर्जांचे डिजिटलायझेशन केला. मतदार वळेरी SIR चो दुसरो पावंडो या महिन्याच्या ४ तारखे क नऊ राज्यां आणि तीन केंद्रशासित प्रदेशांमदी सुरू जाला. हातुंत छत्तीसगड, गोवा, गुजरात, केरळ, मध्य प्रदेश, राजस्थान, तामिळनाडू, उत्तर प्रदेश, पश्चिम बंगाल, पुद्दुचेरी, लक्षद्वीप, अंदमान आणि निकोबार जुवी आसपावतात. मतदार वळेरीचे व्हडा प्रमाणात पुनरीक्षण फुडल्या वर्सा १४ फेब्रुवारीक अंतिम मतदार वळेरीच्या प्रकाशना सयत सोपतले

वेचणूक आयोगान सांगला की विशेष सघन सुधारणा (SIR) चो दुसरो पावडो सुरू झाल्या-सावन मतदारांमदी ५० कोटी सत्याणव लाखांपरस चड गणना अर्ज वितरित केल्यात. या टप्प्यात समाविष्ट जावपी सुमार एकावन कोटी मतदारांपैकी नव्याणव पूज्य त्र्याय्शी टक्के मतदार आसात. आता मेरेन सुमार सत्तेचाळीस कोटी अर्जांचे डिजिटलायझेशन केला. मतदार वळेरी SIR चो दुसरो पावंडो या महिन्याच्या ४ तारखे क नऊ राज्यां आणि तीन केंद्रशासित प्रदेशांमदी सुरू जाला. हातुंत छत्तीसगड, गोवा, गुजरात, केरळ, मध्य प्रदेश, राजस्थान, तामिळनाडू, उत्तर प्रदेश, पश्चिम बंगाल, पुद्दुचेरी, लक्षद्वीप, अंदमान आणि निकोबार जुवी आसपावतात. मतदार वळेरीचे व्हडा प्रमाणात पुनरीक्षण फुडल्या वर्सा १४ फेब्रुवारीक अंतिम मतदार वळेरीच्या प्रकाशना सयत सोपतले

फाटल्या तीन वर्साच गोंयांत एच. आयव्ही तशच एडसाचे दुयेसाचे प्रमाण देवपाक लागला. जाल्यार ह्या देयसाची तपासमी करपाचे प्रमाण वाडला. २०२४ ते ओक्टोबर २०२५ ह्या काळात गोंय भलायकी खात्यान 1 lakh 26 परस चड दुयेंतीची एच आयव्हीची चाचंणी केला. हांतुल्लया ९८ टक्के लोकांक संबंधित दुयेसाचेर उपचार सुरु आसात. जाल्यार चाचंणेच्या अहवाला उपरांत २३७ जांण एच.आयव्ही पोझिटीव्ह आयल्यात.हातुन णव गुरुवार बायलांचो आसपाव आसा. तशेंच 7 जणांक एडसाचे दुयेस जाला. जाल्यार 60 जणांक एडसांक लागुन मरण आयला अशी म्हायती गोय राज्य एडस नियंत्रण समितीच्यो प्रोजोक्ट डायरेक्टर दोतोर वंदना धुमे हिणे दिल्या. त्यो गोय एडस निंयत्रण समितीन जागतिक एडस दिसाच्या फांटभुयेंर पणजे आयोजित केल्लया कार्यावळीत उलयताल्यो. एडस तशेच एचआयव्ही दुयेतींक वेळार उपचार दिवप ह्या दुयासक ना करप

ह्या संक्लपनेचेंर  अंदुचो जागतिक  एडस दिस मनयतात.  गोंय एडस निंयत्रण समितीवतीन राज्यातल्या विंगड विंगड मुळाव्या भलायकी  केंद्रांनी तशेचं भौशिक भलायकी केंद्रांनी ह्या देयासाची  म्हायती , जागृताय, उपचाराविंशी म्हायती दिवप सुरु आसा अशी सांगेल
जागतिक एडस दिसाच्या फांटभुयेंर आयज आयोजित केल्लया कार्यावळीत  भलाकी  सचिव यतींद्र मरालकार मुखेल सोयरे म्हण हाजीर आशिल्ले. तांच्य हस्तुकी गोय एडस नियंत्रण समितीचे न्युज लेटराचे अनावरण तशेचं  सोसायटीच्या कर्मचार्यांचो भौमान जालो.तशेचं  csc zindagi  चे स्मार्ट कार्डाचे वाटप जाले. हे शिवाय जागतिक एडस दिसाच्या फांटभुयेंर घेतिल्लया पथ नाट्य सर्तीच्य जैतिवंताक इनामा भेटोवपाची कार्यावळ ह्या वेळार जाली. तशेंच एडस, तशएचं  एडआव्ही दुयेसाविंशी आनी उपचाराविंशी म्हायती दिवपी टेम्पोक तांणी बावटो दाखोवन राज्यभर  ही मोहिम राबवपाच्या उपक्रमाची सुरुवात केली. ह्यावेळार  राज्यङरातल्या रेड रिबन क्लबाचे विद्यार्थी, तशचं शिक्षक  आनी जवाबदार नागरीक , सोसाटीचे कर्मचारी हाजीर आशिल्ले.

प्राची प्रकाशन वजरी साखळी हांचेवतीन नामनेचे कोकणी साहित्यिक आणि नाटककार प्रोफेसर डॉक्टर प्रकाश रमाकांत वजरीकर हांच्या तीन पुस्तकांचो प्रकाशन सुवाळो   साखळे हांगासर जालो .डॉक्टर प्रकाश वजरीकर हाणीं बरयल्या श्री गुरुचरित्र कथा, संगीत आनंद मठी आनी लोकवेदवाणी या तीन पुस्तकांचो प्रकाशन सुवाळो    खेडेकर सभाघरात साखळी हांगसर जालो. या सुवाळयाक मुखेल सोयरे  म्हणून गोंय वैद्यकीय महाविद्यालयाचे नामनेचे डॉक्टर शिरीष बोरकर, साखळी नगरपालिकेची  नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू ,साहित्यिक डॉक्टर राजय पवार ,साखळे रवींद्र भवनचे उपाध्यक्ष दत्ताराम चिमुलकर आनी लेखक डा.प्रकाश वजरीकर हजर आसले.राजय पवार हाणीं पुस्तकाचेर उलोवप केलें.डॉक्टर प्रकाश वजरीकर हाणीं येवकार दिलो.अनील वेर्णेकर हाणीं सूत्रसंचालन केलें जाल्यार राजेश वजरीकर हाणीं उपकाराचें उलोवप केलें.

दिवचल म्हालांत विंगड विंगड सुवातानी श्री दत्त जयंतीच्या निमत्तान तरेकवार  धार्मिक आनी सांस्कृतिक कार्यावळींचे आयोजन जालें. सांखळेच्या श्री संस्थान दत्तवाडी देवळात आयज सांजवेळा साडेपाच वारांचेर श्री दत्त जन्म सुवाळो जालो. राती नव वरांचेर दत्त रुपया शिबिकोत्सव ही कार्यावळ जातली .फाल्या दनपारा महाआरती आनी उप्रांत महाप्रसाद जातलो.शेनवार 6 डिसेंबराक सांजवेळा स वरांचेर कीर्तन जातले आनी सात वरांचेर

शिबिकोत्सव जातलो. मजगती दिवचल म्हालांत दिवचलच्या श्री दत्त मंदिर, मुळगाव ,कारापूर, साखळे आनी हेर सुवतानी दत्त जयंतीनिमित्त विंगड विंगड धार्मिक कार्यवळी जाल्यो.

बँकिंग कायदे (सुधारणा) कायदो २०२५ हो बँकिंग क्षेत्रात प्रशासन मानकां घटमुट करपाक आणि ठेवीदार आणि गुंतवणूकदारां खातीर वाढीव संरक्षण दिवपाक एक पावल आसा. १५ एप्रिलाक अधिसूचित केल्लो आणि १ ऑगस्टपासून अंमलात आयिल्लो हो कायदो बँकांकडच्यान रिझर्व्ह बँकेक अहवाल दिवपाक एक/समानता सुनिश्चित करपाक आणि भौशिक क्षेत्रातल्या बँकांमदी ऑडिट गुणवत्तेत सुधारणा करपाक प्रयत्न करता.

इंडियन वूमन्स लीग IWL फुटबॉल सरती खातीर पात्रता ही सेझा फुटबॉल अकादमीच्या बायला पंगडा खातीर व्हड संध आसा अशे मत द्रोणाचार्य पुरस्कारप्राप्त अनुभवी फुटबॉल प्रशिक्षक आर्मांद कुलासो यांनी व्यक्त केले. आयडब्ल्यूएल स्पर्धेची अंदु नववी आवृत्ती तब्बल तीन वर्षां उपरांत गोयपंगड या सर्तीत खेळटा

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३४.२ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २३ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले. हलके ते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता